# <u>राज्यपालाकडल्यान ईस्टराची परबी</u>

ता. ३१ मार्च २०१८
१० चैत्र १९४०

गोंयची राज्यपाल डॉ. (श्रीमती) मृदुला सिन्हा हांणी गोंयच्या लोकांक आनी खास करून क्रिस्तांव भावा-भयणांक ईस्टराच्या शुभप्रसंगार आपली हुनहुनीत परबीं भेटयल्या. राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा, जेजू क्रिस्ताक खुरसार मारले उपरांत ताचो पुर्नजल्म जालो, तो दीस ईस्टर म्हुण मनयतात. जाची छळणूक केली, आमच्या पातकांखातीर मेलो आनी तिसऱ्या दीसा जिवो जालो त्या जेजू क्रिस्ताची भविश्यवाणी खरी जाली तो ईस्टर दीस. जेजूच्या पुनर्जीवनाचो उगडास करप म्हळ्यार दिसपट्ट्या अपेक्षांक नवो उजाळो दिता आनी आमी पातकाचेर सदाच जैत मेळोवक शकतात. जेजून आमकां ईश्वराचेर आनी आमच्या सांगाती मानव जातीचेर मोग करपाक शिकायला. तांची शिकवण जशी तांच्या जीणेवेळार गरजेची आशिल्ली तशी आयजय आमच्या खातीर गरजेची आसा. ईस्टर आमकां उजू मार्गान चलपाचो उगडास करून दिता. आमी कित्याचे हक्कदार आसात हे पळयनासतना आमी दुसऱ्या खातीर कित्ये करपाक शकतात हे पळोवक जाय. ईस्टर आमका परोपकार, दया, जबाबदारी आनी भोगसणेची शिकवण दिता.

ह्या ईस्टराच्या प्रसंगार आमी सगळ्यांनी जेजू क्रिस्ताच्या दिव्य पूनर्जीवनाची खुशालकाय मनोवया. येणाऱ्या काळात जेजू क्रिस्ताची शिकवण आमच्या नैतिक आनी आध्यात्मिक जीणेचो उजवाड जाव आनी आमच्या जीणेक शांतीकायेचे पावित्र्य लाभू, अशें राज्यपाल म्हणटा.